# <u>गोंय मुक्ती दीस सुवाळो</u>

ता. 17 डिसेंबर 2020

राज्यांत गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याची सगळी तयारी पूर्ण जाल्ली आसून राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो ता. 19 डिसेंबर 2020 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर कांपाल पणजे बाल भवना सामकारच्या परेड मैदानाचेर जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

मुक्ती दीस सुवाळ्याक म्हायती आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, मंत्रीमंडळातले हेर वांगडी, आमदार, सरकारी सचिव, अधिकारी हजर रावतले.

तशेंच मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या मुक्ती दीस सुवाळ्यात म्हापशें हांगा विज्ञान आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्री. मायकल लोबो, वास्को हांगा पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, पेडणे हांगा उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, केपे हांगा वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल, सांगे हांगा उदका स्त्रोत मंत्री श्री. फिलिप नेरी रॉड्रिग्स, काणकोणा उपसभापती आनी आमदार श्री. इजिदोर फर्नांडिस, दिवचल आमदार श्री. प्रविण झांट्ये, धारबांदोडे भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिपक पाऊसकर तिरंगो बावटो हुबयतले. तशेंच वाळपय उपजिल्हाधिकाऱ्या हस्तुकीं तिरंगो बावटो हुबयतले.

गोंय मुक्ती दिसानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, पर्वरीचे नवीन सचिवालय, लेखा

संचालनालय इमारतीचेर रोशणाय केल्या.

गोंय मुक्तीचे हे 60वे वर्स आशिल्ल्यान सरकारान सांजवेळा 6.00 वरांचेर कांपाला वयल्या दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर खास सुवाळ्याचे आयोजन केला. भारताचे राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण हजर रावतले. तांच्या हस्तुकीं गोंय मुक्तीच्या 60व्या वर्स सुवाळ्याचे उक्तावण जातले. सुवाळ्याक

भारताच्यो प्रथम नागरीक श्रीमती सविता कोविंद, केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, शिश्टाचार मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, विरोधी फुडारी श्री. दिगंबर कामत आनी हेर मानेस्त उपस्थित आसतले. सुवाळ्यात मानेस्तांची भाशणां जाले उपरांत गोंयची संस्कृती, लोककला आनी वारशाचे प्रदर्शन घडोवपी सांस्कृतिक कार्यक्रम जातलो. ताचे पयली सांजेच्या 5.45 वरांचेर राष्ट्रपती पणजेच्या आझाद मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/736

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji